# जिल्लो दंडाधिकाऱ्याची म्हशींच्या येरादारेक परवानगी

17 नोव्हेंबर 2022

कार्तिक 26, 1944

दक्षिण गोंयच्या जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान कुरेशी मीट ट्रेडर्स असोसिएशन ऑफ गोवा,करासवाडा,म्हापसा हांका शेजारच्या राज्यांतल्यान म्हशीं हाडून गोवा मीट कॉम्प्लेक्स लिमिटेड,उसगांव-गोंय हांगा कत्तल करपा खातीर व्हरपाची परवानगी फुडें दिल्या अटीं सयत दिल्या: फकत भलायकेन निरोगी म्हशींच्या येरादारी खातीर शिथीलताय आसतली; जनावरांक कत्तल करपा खातीर थेट गोवा मीट कॉम्प्लेक्स लिमिटेड, उसगांव हांगा दैंवयतले; न्हयकारलेल्या जनावरां जर आसत जाल्यार तांका पीसीए कायद्या खाला ( येरादारी नेम) थारायिल्ल्या गरजेच्यो औपचारिकता पुराय करून थेट उखलून परतून मूळ सुवातेर व्हरतले;एलएसडीच्या संपर्कांत येवंक नाशिल्ली जनावरां हाडचीं ; एलएसडीचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांतल्यान आनी कळपांतल्यान जनावरां हाडची न्हय आनी दरेक खरेदी वेळार सक्षम सरकारी प्राधिकरणा कडल्यान जारी केल्ली गरजेची प्रमाणपत्रां वांगडा आसपाक जाय, जातूंत जनावरांक एलएसडीचो संसर्ग जाल्ल्या वाठारांतल्यान आनी परिणाम जाल्ल्या कळपांतल्यान हाडूंक ना अशें नमूद केल्ले आसपाक जाय.

हो आदेश 16 नोव्हेंबर 2022 ते 22 नोव्हेंबर 2022 मेरेन लागू आसतलो.

ह्या आदेशाचें उल्लंघन करतल्याक भारतीय दंड संहितेच्या कलम 188 खाला ख्यास्त मेळटली.

DI/NB/AXP/PP/UH/2022/1132

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji